# PAPER-II
## KONKANI

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) ___________________________
   (Name) ____________________________
2. (Signature) ___________________________
   (Name) ____________________________

OMR Sheet No. : ............................................
(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | | |
(In figures as per admission card)

Roll No.________________________________
(In words)

**J 8 5 1 4**

Time : **1 1/4** hours] [Maximum Marks : **100**

Number of Pages in this Booklet : **8** Number of Questions in this Booklet : **50**

### Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of fifty multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the circle as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** (A) (B) ● (D)
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **OMR Sheet given inside the Paper I Booklet only.** If you mark at any place other than in the circle in the OMR Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your Name, Roll Number, Phone Number or put any mark on any part of the OMR Sheet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, or use abusive language or employ any other unfair means such as change of response by scratching or using white fluid, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and Original OMR Sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall. You are, however, allowed to carry original question booklet and duplicate copy of OMR Sheet on conclusion of examination.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

### परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. इस पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचास बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे, जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात् किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   (iii) इस जाँच के बाद OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के वृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   **उदाहरण :** (A) (B) ● (D)
   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पत्र I के अन्दर दिये गये OMR पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप OMR पत्रक पर दिये गये वृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप OMR पत्रक पर नियत स्थान के अलावा अपना नाम, रोल नम्बर, फोन नम्बर या कोई भी ऐसा चिह्न जिससे आपकी पहचान हो सके, अंकित करते हैं अथवा अभद्र भाषा का प्रयोग करते हैं, या कोई अन्य अनुचित साधन का प्रयोग करते हैं, जैसे कि अंकित किये गये उत्तर को मिटाना या सफेद स्याही से बदलना तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित किये जा सकते हैं ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं मूल OMR पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें । हालांकि आप परीक्षा समाप्ति पर मूल प्रश्न-पुस्तिका तथा OMR पत्रक की डुप्लीकेट प्रति अपने साथ ले जा सकते हैं ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पेन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **गलत उत्तरों के लिए कोई नकारात्मक अंक नहीं हैं ।**

## KONKANI
## कोंकणी
## Paper – II
## प्रश्नपत्र – II

**Note :** This paper contains **fifty (50)** objective type questions, each question carrying **two (2)** marks. Attempt **all** the questions.

**सुचोवण्यो :** (i) ह्या प्रस्न-पत्रांत वट्ट **पन्नास (50)** भौ पर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.

(ii) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे सकलय दिल्ल्या (A), (B), (C) आनी (D) ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षरान दिवंची.

(iii) दर प्रस्नाच्या सारके जापेक **दोन (2)** गुण दवरल्यात.

(iv) **सगळ्या** प्रस्नांच्यो जापो बरोवंच्यो.

**1.** 'अेस्सायु हिस्तोरिकु दा लिंगुआ कोंकानी' हो कुंज्य रिवारांचो निबंद खंयच्या वर्सा उजवाडा आयलो ?

(A) 1856
(B) 1857
(C) 1858
(D) 1859

**2.** पयली कोंकणी साहित्य परिषद खंयचे सुवातेर जाली ?

(A) मुंबय
(B) उडुपी
(C) कारवार
(D) मंगळुरू

**3.** इ.स. १९३० त 'मोहिनी' कथेक 'यशवन्त' म्हयनाळ्याचे कथा सर्तींत पयलें इनाम हांतल्या कोणाक फावो जालें ?

(A) माणिकराव गावणेकार
(B) लक्ष्मणराव सरदेसाय
(C) मनोहरराय सरदेसाय
(D) यशवन्त सदानन्द पालेकार

**4.** हांतलें खंयचें पुस्तक देवनागरी आनी रोमी लिपयेंत उजवाडून आयलां ?

(A) पोवनाचें तपलें
(B) झिलबा राणो
(C) मोगाचें लग्न
(D) जादूचो जुंवो

**5.** कवितेच्यो वळी आनी कवी हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | आमकां इतिहास आसा<br>आमकांय बी भास आसा. | 5. | पांडुरंग भांगी |
| 2. | सगळे एकेच माळेचे मणी<br>म्हज्या बायलेच्या गळ्यांतलो<br>एक म्हूर्तमणी सोडलो जाल्यार ! | 6. | नागेश करमली |
| 3. | कोंकणच्या रानांत<br>वनदेवी धोलता<br>मखरांतरे पूजा<br>म्हूर्त तिजी. | 7. | र. वि. पंडीत |
| 4. | सुटकेचे वेदीर जावन उबे<br>युगांसपन जांणीं मोखलेलें<br>रगता-चुन्यान पासण लावन<br>तें तर मंदिराचीं सोपणां जालें । | 8. | मनोहर राय सरदेसाय |
| | | 9. | बाकीबाब बोरकार |

(A) 1 – 9, 2 – 5, 3 – 7, 4 – 6
(B) 1 – 5, 2 – 7, 3 – 8, 4 – 6
(C) 1 – 8, 2 – 7, 3 – 5, 4 – 6
(D) 1 – 6, 2 – 7, 3 – 5, 4 – 8

**6.** 'कोंकणी भाशेचें जैत' हें शणै गोंयबाबांचें पुस्तक इंग्लीश भाशेंत कोणे अणकारून हाडलां ?

(A) प्रकाश थळी
(B) एस्. एम्. बोर्जिस
(C) औलि विन्यु गॉमिश
(D) जे. बी. मोराइश

7. कोंकणी भाशेचें प्रमाणिकरण खंयच्या चार मळांचेर करपाक जाता ?

(A) उत्तर, स्वर, व्यंजन, शब्दशक्त

(B) उच्चार, बरोवपी, व्याकरण, उतरावळ

(C) लिपी, भास, प्रत्यय, ध्वनि

(D) स्वन, रूपिम, लिंग, काळ

8. 'अरेबियन डेज' ह्या भोंवडेवर्णनाचो बरोवपी कोण ?

(A) उदय गुडे

(B) दत्ता दामोदर नायक

(C) रविंद्र केळेकार

(D) यशवन्त केळेकार

9. 'इतिहासकार जें फिदें घटित जाता, ताचें वर्णन करता आनी कवी जें फिंदें घडूंक शकता ताची अभिव्यक्ती करता' ही उतरां हांचेमदल्या कोणाली ?

(A) एरिस्टॉटल

(B) बर्डस्वर्थ

(C) लोंजाइनस

(D) प्लेटो

10. स्वास नळयेंतल्यान भायर सरपी हवेक तोंडात आडखळ जावन जाल्ल्या उच्चाराक फसली व्यंजनां म्हणटात ?

(A) महाप्राण व्यंजनां

(B) घांसडी व्यंजनां

(C) स्फोटी व्यंजनां

(D) महाप्राणी व्यंजनां

11. हांतूतलें संबंदी-अव्यय खंयचें ?

(A) सरीं

(B) पोंदा

(C) लागीं

(D) सयत

12. प्रकाशन वर्सा प्रमाण ह्या रचनाकृतींचो योग्य क्रम खंयचो ?

(A) कोंकणी काव्य संग्रह, लोकरंग, कोंकणी मानस गंगोत्री, कषाय मधुर

(B) कोंकणी काव्य संग्रह, कोंकणी मानस गंगोत्री, लोकरंग, कषाय मधुर

(C) कोंकणी काव्यसंग्रह, कषाय मधुर, कोंकणी मानस गंगोत्री, लोकरंग

(D) कोंकणी मानस गंगोत्री, कोंकणी काव्य संग्रह, कषाय मधुर, लोकरंग

13. मिगेल द आल्मैदीच्या 'वनवाळ्याचो मळो' ह्या ग्रंथाक ________ पानां आसात.

(A) 557

(B) 567

(C) 654

(D) 554

14. पाद्री आंतोनियु सालदान्य हांणी खंयचो ग्रंथ बरयलो ?

(A) 'वनवाळ्याचो मळो'

(B) 'सगळ्या वरूसाचें आंजेल'

(C) 'फ्लोस सांतारूक्म'

(D) 'देक्लारासांव द दौत्रिन क्रिश्तां'

15. बी. वी. बाळिगांनी कोणाली कृती कोंकणीत अणकारित केल्या ?

(A) तुलसी रामायण – तुळशीदास

(B) गीत रामायण – ग. दि. माडगुळकर

(C) गोड्डे रामायण – लोक कवी

(D) भावार्थ रामायण – संत एकनाथ

16. आग्वादाच्या बंदखणींतल्यान नागेश करमली हांणी खंयचे नेमाळें चलयल्लें ?

(A) जोत

(B) दिवटी

(C) उजवाड

(D) सत्

17. सकयल दिल्ल्या वाक्यांतल्या उतरांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

हांव जेवपाक बसलो इतल्यांत श्रीधर आयलो.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | हांव | 5. | नाम |
| 2. | बसलो | 6. | सर्वनाम |
| 3. | इतल्यांत | 7. | क्रियापद |
| 4. | श्रीधर | 8. | विशेशण |
| | | 9. | क्रिया विशेशण |

(A) 1–8, 2–9, 3–5, 4–7
(B) 1–6, 2–7, 3–9, 4–5
(C) 1–7, 2–8, 3–9, 4–6
(D) 1–6, 2–8, 3–9, 4–9

18. जेन्ना एकाद्रें उतर एक वा दोनापरस चड फावटीं येता आनी तांचो अर्थ वेगवेगळो जाता तेन्ना थंय
(A) उपमा अलंकार आसता
(B) उत्प्रेक्षा अलंकार आसता
(C) श्लेष अलंकार आसता
(D) यमक अलंकार आसता

19. सकयल्या वाक्य प्रचाराचो बरोबर अर्थ खंयचो ?
आडवो हात मारप.
(A) आडव्या हाताचेर मारप
(B) फट उलोवप
(C) हात मुरडप
(D) खूप खावप

20. स्वन म्हळयार
(A) स्वास नळयेंतल्यान भायर सरपी हवेक (स्वासाक) तोंडांत आडखळ हाडपी ध्वनी.
(B) तोंडातल्यान भायर सरिल्लो आनी जाचो भाशेंत वापर जाता तो ध्वनी.
(C) भाशेचे बांदावळींत ल्हानांतल्या ल्हान अर्थपूर्ण अशा उतराचो ध्वनी.
(D) फुफ्फुसांतल्यान भायर सरपी हवेक खंयच आडखळ न हाडपी ध्वनी.

21. सकयली खंयची कृती काव्य ह्या प्रकारांत आसपावता ?
(A) चिकोळी
(B) आमोरी अमुरपिकी
(C) अमुरपिक्यो चिंचो
(D) अक्षर ब्रह्म

22. बीभत्स रसाची निर्मणी खंयच्या स्थायीभावांतल्यान जाता ?
(A) उत्साह
(B) जुगुप्सा
(C) रति
(D) वीर

23. सकयल दिल्ल्यो प्रस्तावना आनी त्यो बरोवपी हांची योग्य जोडी वळखात.
(A) समाजिक निबंद मूळ धरता – डॉ. किरण बुडकुले
(B) ब्रह्मांडाची भोंवडी – डॉ. तानाजी हळर्णकार
(C) देठांतल्या म्होंवाचो माग घेतना – रवीन्द्र केळेकार
(D) अमुरपिकी रूच – माधव बोरकार

24. ‘आयज रे धोलार पडली बडी’ ह्या साहित्य कृतींतल्यान ________.
(A) रावणाचे प्रतीक घेवन कवीन फिरंगी सत्तेचेर बडी मारल्या.
(B) दुर्योधनाचें प्रतीक घेवन समकालीन राजकारणाचेर बडी मारल्या.
(C) कंसाचें प्रतीक घेवन कवीन फिरंगी सत्तेचेर बडी मारल्या.
(D) नरकासुराचें प्रतीक घेवन कवीन समकालीन पुर्तुगेज सत्तेचेर प्रहार केला.

25. ‘चवकी’ ह्या अणकारित कादंबरेची ‘प्रतिष्ठानाची मोख’ ही प्रस्तावना हांतल्या कोणे बरयल्या ?
(A) उदय भेंब्रे
(B) चन्द्रकान्त केणी
(C) प्रकाश थळी
(D) रवीन्द्र केळेकार

**26.** गोंथातले गांव आनी थंय जावपी जात्रा-फेस्तां हांच्यो फावो त्यो जोडयो लायात.

| | |
|---|---|
| 1. सावय-वेरें | 5. मुसळां नाच |
| 2. चांदर | 6. गडे |
| 3. सांगें | 7. वीरभद्र |
| 4. साळ | 8. जागर |
| | 9. कालो |

(A) 1–9, 2–5, 3–7, 4–6

(B) 1–8, 2–5, 3–7, 4–6

(C) 1–9, 2–6, 3–7, 4–6

(D) 1–7, 2–6, 3–8, 4–6

**27.** कोंकणी मनीस उलयतना वर्णांतर करता कित्याक

(A) वर्णांतर करपान ताका आपणाल्या उलोवपांत वेगवेगळे अर्थ हाडपाक येतात.

(B) ताचें मन म्होंवाळ, मोवाळ आनी सुक्षीम देखून अर्थाची आनी सोबीतकायेची भूक भागयतीत अशींच उतरां तो आपणायता.

(C) भाशेंतल्या उतरांक सोबीतकाय दिवपाचो ताचो प्रयत्न आसता.

(D) खंयचोय नवो आशय सांगपाक ताका सोंपेपण जाता.

**28.** उजवाडणेच्या वर्सा प्रमाण ह्या साहित्यकृतींचो योग्य तो अनुक्रम खंयचो ?

1. भारतवर्षाची संस्कृतायेची साधना
2. कोंकणी समीक्षाणाची परिभाशीक उतरावळ
3. आत्म्याचें संगीत
4. कोंकणी भाशाविज्ञान
5. पश्चिमी समीक्षेकडेन इश्टागत.

(A) 1, 2, 3, 5, 4

(B) 2, 1, 5, 4, 3

(C) 4, 5, 3, 1, 2

(D) 4, 3, 5, 1, 2

**29.** सयकल दिल्ल्या विधांनातलें खंयचें विधान चूक आसा.

(A) 'थांग-अथांग' ही कृती जयंती नायकान संग्रहीत केल्लो कथांचो झेलो.'

(B) 'गांठवल' ही नवलिका देवीदास कदम हांणी बरयल्या.

(C) 'निमित्ताक कारण' हें पयलें खऱ्या अर्थान कोंकणी नाटक.

(D) 'एका विचाराची जिवीतकथा' हें पुस्तक माधवी सरदेसाय हांणी अणकारिल्लें आसा.

**30.** 'युगसांवार' ही महाबळेश्वर सैल हांची नवलिका खंयच्या वर्सा उजवाडून आयली ?

(A) 2001

(B) 2004

(C) 2000

(D) 1999

**31.** 'पालवा पान' ह्या पुस्तकाचो बरपी कोण ?

(A) सुमेधा देसाय

(B) सुधा आमोणकार

(C) माया खरंगटे

(D) सुधा खरंगटे

**32.** 'घोस्त' हें पुस्तक खंयच्या साहित्यप्रकारांत आसपावता ?

(A) घोस्तान बरयलेल्या काणयांचें पुस्तक.

(B) स्मरणरंजनात्मक ललित निबंदाचें पुस्तक.

(C) भुताटकीच्या काणयांचे पुस्तक.

(D) भाशांतरीत आत्मकथानांचें पुस्तक.

**33.** 'लावां-भुतां' ह्या पुस्तकाचो मूळ बरोवपी कोण ?

(A) इब्सेन

(B) शेक्सपियर

(C) मोलीयेर

(D) जॉर्ज बनीर्ड शॉ

34. चार्ल्ज फर्गुजन हांणे भासविज्ञानांतलो खंयचो सिद्धान्त मांडलो.

(A) बाजारी हिंदी

(B) पिज्जीन भाशेचो

(C) डायग्लॉसिया

(D) भाशिक पुनर्रचणुक

35. इ.स. २००८ हे वर्सा खंयच्या साहित्यकृतीक दिल्लीच्या साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फाव जालो ?

(A) 'घणाघाय नियतीचे'

(B) किरवंट

(C) कावळ्याचें स्राद्ध

(D) जाय काय जूय ?

36. हांतुंतलें खंयचें विधान बरोबर ?

(A) पंजाबी आनी हिन्दी भाशीक अस्मितायांफाटल्यान समाजीक/ संस्कृतीक निश्ठा पळोवंक मेळटा.

(B) पंजाबी आनी हिन्दी भाशीक अस्मितायो राजकी हावेसांक लागून वेगळ्यो जाल्यात.

(C) पंजाबी आनी हिन्दी भाशीक अस्मितायो फकत लिपी भेदाक लागून वेगळ्यो अस्मितायो जाल्यात.

(D) पंजाबी आनी हिन्दी भाशीक अस्मितायो व्याकरणीक वेगळेवणाचे बुनयादीचेर उब्यो आसात.

37. हांतलें खंयचें पात्र 'तुटिल्लें नातें' ह्या कथेंतलें आसा ?

(A) दीपक

(B) तेरेझीन

(C) देवेश

(D) डोना

38. मिनीन आरावजो हांच्या तियात्राचें नांव हांतलें खंयचें ?

(A) सोबीत संवसार

(B) दुडवांचो बाजार

(C) भाडयाचो कुसवो

(D) मोगाचो मायपास

39. ज्योतिशशास्त्राच्या नदरेन ऋग्वेदाचो अभ्यास करपी अस्तंतेकडल्या विद्वानाचें नांव खंयचें ?

(A) मैक्समुल्लर

(B) डॉ. विल्सन

(C) कीथ

(D) याकोबी

40. 'आधुनिकतावाद आनी कोंकणी कथा' हो लेख बरोवपी हांतलो कोण ?

(A) किरण बुडकुले

(B) प्रियदर्शिनी तडकोडकार

(C) हरिश्चंद्र नागवेंकार

(D) मनोहरराय सरदेसाय

41. सकयल दिल्ल्या पुस्तकांमदलें कोंकणी भाशेविशीचें खंयचें पुस्तक कोंकणी भाशा मंडळ हे संस्थेन उजवाडा हाडूंक ना ?

(A) कोङ्कणी साहित्य मज्जिरी

(B) कोंकणी भाषा : प्रकृती आणि परंपरा

(C) कोंकणी व्याकरण

(D) कोंकणी कवितेची पांच दसकां

42. ________ ह्या इंग्लेज उतराक 'आदिम' हें परिभाशिक उतर आसा.

(A) Prototype

(B) Myth

(C) Archetypal

(D) Primitive

43. सकयल्या वाक्यांत खंयचो अलंकार आसा ?

तो तिका पळोवनगेलो

उपरांत ताणे तिका पळोवन व्हेले.

(A) श्लेश अलंकार
(B) अनुप्रास अलंकार
(C) यमक अलंकार
(D) दीपक अलंकार

44. सकयल दिल्ल्यो कवितेच्यो वळी बयाभाव हांच्या खंयच्या कवितेंतल्यो आसात ?

चल-चलता जाली रात

दोळे म्हजे झेमेतात

कोण जाणा ? – चुकलें वाट

आयलें सोडून मार्ग नीट !

(A) मांडो
(B) मागणे
(C) जागर
(D) अश्रेकणी

45. सकयल दिल्लो खंयचो ग्रंथ जैन साहित्याचो आसा ?

(A) समयसार
(B) तजकिरातुल
(C) प्रज्ञापरमिता
(D) ब्रह्मवैवर्त

46. एकांकी आनी तांतुतलें पात्र हांच्यो फाव त्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | बुदवंत | अ. | उपरें |
| 2. | सेलिया | ब. | वळख |
| 3. | सावळी | क. | किळांच |
| 4. | अस्लम | ड. | सरफरोशी की तमन्ना |
| | | ट. | भूंयगर्भ |

(A) 1 – क, 2 – ब, 3 – ड, 4 – अ
(B) 1 – ब, 2 – ड, 3 – अ, 4 – क
(C) 1 – ब, 2 – क, 3 – ड, 4 – ट
(D) 1 – ड, 2 – क, 3 – ट, 4 – ड

47. सकयल दिल्लीं खंयची विधानां बरोबर आसात ?

1. अश्रेकणी म्हळ्यार दोन तरणीं काळजां जेदेवेळार एकमेकांक कडकडून मेळूंक आंवडेताततेदेवेळची अवस्था.
2. 'बनवड' हो मेल्ल्याच्या जल्मदिसाची परबीं मनोवपाक गायतात.
3. म्हणीतल्यान गोंयच्या पुराय समाजाचें चित्रण मेळटा.
4. गोंयांतली 'कला अकादमी' ही संस्था सांस्कृतिक मळार वावुरता.

(A) 1 आनी 2
(B) 2 आनी 3
(C) 3 आनी 4
(D) 1 आनी 4

48. कोंकणीतले अणकार आनी अणकारपी हांच्यो योग्य त्यो जोडयो वेंचात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| 1. | उत्तर दिकेच्यो वणटी | अ. | रेवती कालेलकार |
| 2. | शाकुंतल | आ. | गोकुळदास प्रभु |
| 3. | हयवदन | इ. | अनंत राम भट |
| 4. | चवकी | ड. | प्रकाश थळी |
| | | च. | ओलिविन्यु गोमिश |

(A) 1 – अ, 2 – इ, 3 – आ, 4 – च
(B) 1 – अ, 2 – इ, 3 – ड, 4 – आ
(C) 1 – इ, 2 – आ, 3 – च, 4 – आ
(D) 1 – आ, 2 – च, 3 – ड, 4 – इ

49. सकयल दिल्ल्या उतरांचो समास खंयचो तें वळखान त्रिलोक आनी आमरण.

(A) कर्मधारेय आनी द्विगु
(B) द्विगु आनी अव्ययीभाव
(C) अव्ययीभाव आनी कर्मधारेय
(D) तत्पुरुष आनी द्विगु

50. हांतलें खंयचें कवितेचें पुस्तक सु. म. तडकोडकार ह्या कवीन बरयलां ?

(A) एक कृष्णकळी
(B) मनसांवर
(C) मोग किनारी
(D) चान्याचे राती

**Space For Rough Work**